

सप्टेंबर– नोव्हेंबर 2015

# चिवपूट





**चलात पासयेक !!**

नायल न्हंय ही जगांतली
सगल्यांत लांब न्हंय.
ही न्हंय आफ्रिकेंत व्हांवता.
तिची लांबाय
6853 किलोमिटर आसा.

# मांडावळ




| | | |
|---|---|---|
| मूख चित्र | - मिलन खानोलकार | |
| पावस आयलो | - प्रकाश पर्येकार | 1 |
| चलात पासयेक | - चेतन आचार्य | 2 |
| रबर बॅण्ड | - उषा कामत | 4 |
| चित्रां | - इशान काकोडकार | |
| पिचकारी | - वेद प्रभुदेसाय | 8 |
| ऋषिकाका सांगता | - ऋषिकेश कदम | 10 |
| सांजांव | - इनासीयो आलव्हारीस | 11 |
| वा! करपाक सोप्पें! | | 14 |
| थोडें आमचें थोडें तुमचें | - रत्नमाला दिवकार | 15 |
| चित्र | - रेश्मा पागी | |
| जोडयो लावया | - रिया गांवकार | 16 |
| अक्षर कुवाडें | - प्रज्ञा प्रभुदेसाय | 17 |
| राजूचें मकर | - अन्वेषा सिंगबाळ | 18 |
| चित्रां | - प्रसाद नायक | |
| कुटूकुटू कुटूऱ्यो | - नयना आडारकार | 22 |
| चित्र | - सिया पंडीत | |
| आवंय कळना? कूयऽऽ..कूयऽऽ.. | | 23 |
| चित्र | - निखील नायक | |


(नांव बरयप)

**हो अंक ____________ चो**


संपादक मंडळ

रत्नमाला दिवकार (7875227761)
चेतन आचार्य (9422389290)
दिनेश मणेरकार (9552551425)
जुझे लॉरेंस (9822184740)
ऋषिकेश कदम (7588925295)
कलानंद बांबोळकार (9823105373)


मोल : रु. 30/-

# रबर बॅण्ड



निता आनी जया दर्यावेळेर गेल्लीं.



ताणीं थंयचे शंख आनी शिंपयो पुंजायल्यो.



जयान व्हिस्तिदाच्या बॉल्सांतली ल्हानशी कपड्या पिशवी काडली.



तातूंत ताणीं शंख आनी शिंपयो भरल्यो.



"आगो, पिशवी पिंजल्या मगो!" नितान म्हणलें.




जयान आपल्या केंसांचो रबर बॅण्ड काडलो.



पिंजिल्ल्या जाग्यार रबर बॅण्ड घालून पिशवी सारखी केली.



पुंजायिल्ले शंख आनी शिंपयो पिशवेंत भरून तीं घरा आयलीं.








चलात, भाजयो रंगांत
बुडोवन खेळया.

(मुखावेल्यो सुचवण्यो वाचून फुडल्या पानार फूल तयार करात)



- ★ पयलीं भेंडो आनी फुगी मिरसांग हांचो सुऱ्येन अर्द करून घेयात.
- ★ तांचीं अर्दां तुमकां जाय त्या रंगांत बुडयात.
- ★ चित्रांतल्या देठांचेर छाप मारात.
- ★ वेगवेगळ्या आकाराचीं फुलां तयार जातलीं.



# ऋषीकाका सांगता

## तुमकां खबर आसा?

सवण्यान तातीं घालून तातुंतल्यान पिलां जल्मतात तेन्ना
त्याच जातीचीं दुसरीं सवणीं त्या पिलांक खावू घालपाक आदार करतात.
जेन्ना एका सवण्याच्या तातयांतल्यान पिलां जल्माक येतात,
तेन्ना त्या आवय सवण्याच्यो भाव भयणी त्या पिलांक खावू सोदून हाडून
तो खावपाक घालपाक आदार करतात.
ल्हान पिलां व्हड जातकूच तिंवूय नव्या पिलांक खावू सोदून हाडटात.



# सांजांव





# वा! करपाक सोप्पें !



एक चौकोनी कागद
चारूय कोनशांनी अर्दार कापात.



चारूय कोनशांचें एक एक पोत
मध्य सुवातीर हाडात.



चारूय पोतांक
एक पीन लायात.



फाटल्यांतल्यान बडी लायात.
जालें गिरगिरें तयार!

# थोडें आमचें थोडें तुमचें

(कविता पुराय करात)



पोरसांत फुल्ल्यांत
फुलांच फुलां रंग रंगांची
दसण - - - - -
- - - - - - - - - -

पोरसांत फुल्ल्यांत
फुलांच फुलां वासा वासाचीं
चांफो - - - - -
- - - - - - - - - -

पोरसांत फुल्ल्यांत
फुलांच फुलां म्होवां गळ्याचीं
चित्रंगी - - - - -
- - - - - - - - - -


# जोडयो लावया







पांच रुपया खंयच्या मातये आयदनांत
घालपाचे सांगात पळोवया



## बुडकुल्यांतल्या चौकटांतलीं मातये आयदनां सोदून काडात.

अक्षर

कुवाडें

| | | | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|---|---|
| | | | घु | भां | | | |
| | | पो | म | ड | की | | |
| | फं | मि | ट | सुं | कों | शें | |
| टां | आ | ले | ख | कु | बो | ग | व |
| वी | गु | र | गु | ले | त | अ | धू |
| ए | ड | न | बां | बु | व | द | र |
| | र | को | रो | य | ली | घ | |
| | | उ | व | उ | ट | | |



# राजूचें मकर

चवथ लागीं पावली. राजूल्या दादान मकर माळ्या वेल्यान सकयल देंवयलें.





दादान बाजारांत वचून
रंगीत फोली घेतल्यो.
तांबड्यो, पाचव्यो, निळ्यो,
हळदुव्यो, केसरी, तरातरांच्यो.



दादान एक एक फोल दोडली
आनी तो त्यो कापूंक लागलो.



दादा फोली कापता तें पळोवन
राजूकय फोली कापच्यो कश्यो दिसल्यो.
ताणें दादा लागीं फोली मागल्यो.



दादान राजूक जांबळीच फोल दिली.
राजू ती कापूंक लागलो.




दादान आपणे कापिल्ले फोर्लीची घडी उघडली.
ताचो बरो डिजायन जाल्लो.
ताणें त्यो मकराक दसयल्यो.



राजून आपणे कापिल्ले फोलीची घडी उघडली.
ताचे कशाकशेय आकार जाल्ले.
दादान हांसत त्यो घेतल्यो आनी
तांची मकराक एक झालर केली.

# कुटूकुटू कुटूऱ्यो



कुटूकुटू कुटूऱ्यो
लिपला थंय कोण?
पणसांत गरे
गऱ्यांत भिकणां
कुशीक चारखण

कुटूकुटू कुटूऱ्यो
लिपला थंय कोण?
चिंचेर चिच्यो
आंबट आंबट
आनी चिंचारे दोन




सारा : शेमाय, कितें कोत्ताय गे?

शेमाय : निस्तें उजरायतां. चोल इल्लें मीट घाल चोवया.

सारा : मीट कित्याक घालूं जायें गे?

शेमाय : निस्त्याक खारसाण लागोंकू.

सारा : हूं ! शेमाय मीट कित्याचे कोत्ताय गे?

शेमाय : कित्याचे म्हुळ्यार गो, दोर्या उदका न्हू गो?

सारा : शेमाय, निस्तें दोर्यांत रावता न्हू गे?

शेमाय : व्होय पुता!

सारा : मागीर दोर्यांत रावोन तेंकां खारसाण लागोऽऽऽना?

वर्सुकी पटी : 100/- रुपया तीन वर्सांची पटी : 250/- रुपया


नांव: ______________________________

घर क्रमांक : ________ वाडो/मार्ग : ______________ गांव /शार: ______________

पीन कोड: ______________ फोन : ______________

ई-मेल: ______________________________

चेक/ड्राफ्ट : कोंकणी भाशा मंडळ (Konkani Bhasha Mandal) नांवान काडचो.



सई भांडारे, द लिटल पेंग्वीन स्कूल, बांयगीणी.



विराज यादव, बालभारती विद्यामंदीर, रायबंदर.



स्मीत नायक, सर्वोदय प्रायमरी स्कूल, कुडचडें.



पलिया अग्नी, विद्याभुवन कोंकणी शाळा, मडगांव.



लक्ष्मी यादहल्ली, बालभारती विद्यामंदीर, रायबंदर.



कविता चव्हाण, विद्याभुवन कोंकणी शाळा, मडगांव.

चिरपूट (सप्टेंबर– नोव्हेंबर 2015)


कोंकणी भाशा मंडळ, गोंय

KONKANI BHASHA MANDAL, GOA

कोंकणी भवन, शंकर भांडारी मार्ग, विद्यानगर, मडगांव, गोंय 403 601 फोन: 2750585 रजि. क्र. 341/63

Website: www.konkanibhashamandal.com Email: chirput@konkanibhashamandal.com